# गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेची बसका जाली

ता. 3 मार्च 2017

गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्या कार्यकारी मंडळाची बसका काल पर्वरे सचिवालयात जाली. भलायकी सचीव श्री. सुधीर महाजन हांचे यजमानकेखाला जाल्ले बसकेक बायलां आनी भुरगीं उदरगत सचीव श्रीमती शिल्पा शिंदे, समाज कल्याण सचीव श्री. संजय गोयल आनी हेर अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

सुरवेक गोंय एडस् नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. जुजे डिसा हांणी गोंयातल्या एचआयव्ही/एडस् परिस्थीतीची म्हायती दितना राज्यात हालीच्या काळात एडस् दुर्येंतीचे प्रमाण कमी जाल्ल्याचे सांगले.

बसकेत फेब्रुवारी ते मार्च 2017 मेरेन गोंयच्या जिल्हो हॉस्पिटलांनी चलपी एचआयव्ही जागृती आनी तपासणी कार्यक्रमाचेर चर्चा जाली. एडस् नियंत्रणाखातीर घुवळीं वखद्दा सुयेक तोपून घेवप्यांचे सर्वेक्षण करपाची गरज बसकेत उक्तायली. बसकेत संस्थेच्या कर्मचाऱ्यांच्या प्रस्नांचेरय चर्चा जाली.

एचआयव्ही/एडस् नियंत्रणा खातीर बिगर सरकारी संघटनांच्या सहकार्यान लोकांमदी जाग्रुताय करपाचीय गरज बसकेत उक्तायली.

गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे डीन डॉ. प्रदीप नायक, डॉ. राजेश धुमे, डॉ. सावियो रॉड्रिग्स, डॉ. एडविन गोम्स, डॉ. प्रदीप शिंक्रे हेवूय बसकेक हाजीर आशिल्ले.